## म्हत्वाचे विकास प्रकल्प वर्सभरात पूर्ण करतलें- मुख्यमंत्री

ता. 23 मार्च 2021

म्हत्वाच्या विकास प्रकल्पांची कामां फुडल्या एका वर्साभितर पूर्ण करपात येतली म्हणपाचे सांगून मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला गोंयांक सगळें बाबतीत स्वयंपुर्ण करपा खातीर विधानसभा वांगड्यांनी सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

मुख्यमंत्री आयज पर्वरी विधानसभा प्रकल्पातल्या पीएसी सभाघरांत सरकाराक दोन वर्सां पुर्ण जाल्ल्याच्या निमतान वेगवेगळ्यां कार्यक्रमांचो शुभारंभ केले उपरांत उलयतालें. कोवीड म्हामारीच्या संकटातय आपले सरकार स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला लोकांक वेगवेगळ्यां सुविधां आनी येवजणांचो लाव दिवपाक यशस्वी जाला. तशेंच विकासाची गती कायम राखपाक शकलें. गोंय मुक्तीच्या 60 व्या वर्सा निमतान वेगवेगळें उपक्रम राबोवपाखातीर केंद्र सरकारान राज्य सरकाराक 300 कोटीचें अर्थिक पॅकेज दिल्ले आसून हो निधी विकास प्रकल्प पुर्ण करपाक, खाजगी आनी सरकारी क्षेत्रात रोजगार निर्माण करपाक आनी हेर सुविधांखातीर वापरपात येतलो. ह्या प्रकल्पांमदी मरिटाईम क्लस्टर, मोपा विमानतळ, इलेक्ट्रॉनिक सिटी अशां प्रकल्पांचो तातूंत आसपाव आसा. तशेंच शिक्षण धोरणाचेर भर दिवपात येतलो.

आपल्या सरकाराची दोन वर्सा पुर्ण जाल्ल्याच्या निमतान कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते आनी मुख्यमंत्री कार्यालयाच्या कर्मचाऱ्यांचे अभिनंदन केले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यांन स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम म्हायती पुस्तीका, माहितीपट, व्हिडिओ गाणे आनी डिजिटल व्हिज्युअल ग्राफिक्साचे प्रकाशन केलें.

सुवाळ्याक उपमुख्यमंत्री श्री चंद्रकांत कवळेकर, उपमुख्यमंत्री श्री मनोहर आजगांवकर, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री गोविंद गावडे, येरादारी मंत्री श्री माविन गुदिन्हो, भलायकीमंत्री विश्वजित राणे, उदकास्त्रोत मंत्री श्री फिलिप नेरी रॉड्रिग्ज, पीडब्ल्यूडी मंत्री श्री दीपक पावस्कर, बंदर खात्याचे मंत्री श्री मायकल लोबो, लोकसभेचे सदस्य श्री के सी त्यागी, आमदार श्री सुभाष शिरोडकर, श्री ग्लेन टिकलो आनी श्रीमती अलिना साल्दाना, मुख्य सचिव श्री परिमल राय, सरकारचे

सचिव, माहिती आनी प्रसिद्धी, संचालक सुधीर केरकर, एचओडीज आनी भाजप गोंय अध्यक्ष श्री सदानंद तनावडे आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

उपमुख्यमंत्री श्री.चंद्रकांत कवळेकर हांणी येवकाराचे उलवप केले.

उपमुख्यमंत्री श्री मनोहर आजगांवकर हांणी उपकार मानले. श्री गोविंद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/345

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji